## Akashvani Panaji Goa Regional Bulletin 7.25am 18.04.24

**रमाकांत खलप अर्ज 100**

**इंडी आघाडी पुरस्कृत कॉग्रेस उमेदवार रमाकांत खलप हांणी आयज रामनमीच्या म्हूर्ताचेर उत्तर गोंय लोकसभा मतदारसंघाखातीर उमेदवारी अर्ज सादर केलो. उत्तर गोंय जिल्लोधीकास्यां कडेन ताणी उमेदवारी अर्ज सादर केलों. हे वेळार प्रदेश कॉग्रेस अध्यक्ष अमित पाटकार, विरोधी पक्ष फुडारी यूरी आलेमाव, आमदार कार्लोस फेरेरा आनी कार्यकर्ते हाजीर आशिल्ले. उमेदवारी अर्ज भरचे पयली रमाकांत खलप आनी कार्यकर्त्यांनी पणजेत महालक्ष्मी देवळाक भेंट दिवन देवीचे दर्शन घेतले.**

**देशांत भाजप विरोधी वातावरण आशील्ल्यान इंडि आघाडीचे जैत नीस्चित आसा असो विस्वास प्रदेश कॉग्रेस अध्यक्ष अमित पाटकार हांणी उक्तायला.**

**हाचे पयली भाजपा उमेदवार केंद्रिय मंत्री श्रिपाद नायक हांणी उत्तर गोंय लोकसभा मतदारसंघा खातीर उमेदवारी अर्ज सादर केला.**

**विरियातो अर्ज ९०**

**इंडिया अलायन्साच्या सहकार्यान काँग्रेसीचे लोकसभा वेंचणुके खातीर दक्षिण गोंय मतदारसंघाच्या उमेदवापी खातीर कॅप्टन विरियातो फर्नांडीस हांणी आयज मडगांवच्या माथानी साल्ढाणा प्रशासकी संकुलात जिल्होधिकाऱ्यांकडेन आपलो उमेदवारी अर्ज सादर केलो.**

ह्या पयलीं इंडिया अलायन्साच्या फुडाच्यांनी/ मडगांव फातोड्डेच्या श्री दामोदराचें दर्शन घेवन आपल्या जैता खातीर प्रार्थना केली. ह्या वेळार गोवा फोरवर्ड पक्षाचे आमदार विजय सरदेसाय उमेदवार कॅप्टन विरियातो फर्नांडीस, गोवा फोरवर्डाचे वांगडी दुर्गादास कामत, आमदार युरी आलेमांव, ॲल्टन डिकॉस्ता, अमित पालेकार आनी आम आदमी पक्षाचे फुडारी हाजीर आशिल्ले. मडगांवच्या तांच्या कार्यालया कडल्यान तांच्यांनी मिरवणुक काड़ीत आपलो उमेदवारी अर्ज सादर केलो.

अणलेक्सी फर्नांडिसान दक्षिण गोंयांतल्यान अपक्ष म्हणून उमेदवारी अर्ज दाखल केलो 90

दक्षिण ग्रेवा लोकसभा वैचणुके खातीर अपक्ष उमेदवार म्हणून अ ालेक्सी फर्नांडीसान औयेज आपलो उमेदवारी अर्ज दाखल केलो. फर्नांडीस हो शिवसेनेचो आदलो दक्षिण गोंय जिल्हो फ्डारी आशिल्ले, शिवसेनेचो राजिनामो दिल्लो आनी दिला आनी-लब ही तांणी सांगलें. वैचणूक लढ्यता अशें

औयज तांणी आपलो उमेदवारी अर्ज दक्षिण गोंयचे मुखेल वेंचणूक अधिकारी अश्विन चंद्र हांचे कडेन सादर केलो. फर्नांडीस कराटे खेळगडे आसून ते गोंयांतल्या जायत्या सुवार्तींनी कराटेचें प्रशिक्षण दितात. आयज काल दनपारां ताणी आपलो अर्ज सादर केलो. तांची प्रतिज्ञापत्र सांजवेळा मेरेन वेंचणूक आयोगाच्या संकेतथळार अपलोड जावंक नाशिल्ल्यान नाशिल्ल्याम ते विशीची म्हायती मेळूक शकली ना.

**केरी - रामनम 80**

**लाल गोंयभर आयज रामनमी निमतान वैगवेगळ्यो धार्मिक आनी सांस्कृतिक कार्यावळी जाल्यो. दनपारां १२ वरांचेर रामजन्मोत्सवा निमतान रामाच्या तशेंच हेर देवळांनी कीर्तन, भजन, पुराण, आनी कथा अश्यो कार्यावळी हदबाज्यात जाल्यो. केरी फोण्या ५०० वर्सांचो इतिहास लाबिल्या श्री विजयादुर्गा देवीच्या देवळात राम जन्मोत्सव तशेंच कीर्तन पालखी आनी महाप्रसाद अशी तरेकवार कार्यावळ आयज्ञ संपन्न जाली. आयज / मजगती फाल्यासावन हांगा सुवर्ण शिखर कलश प्रतिष्ठापना महोत्सव सुरू जातलो. श्रृंगेरी पिठाधीश जगदगुरू / तूकी/२१ शंकराचार्य विधूशेखर स्वामी महाराज हांच्या हस्तूर्की २१ एप्रिल दिसा सुवर्ण शिखर कलशारोहण जातलें.**

**MA-POPULATION: UN 100**

**लोकसंख्या अहवालाप्रमाण नदरेन भारत संवसारांत पयल्या क्रमांकाचेर आसा. सद्याच्या अदमासा प्रमाण भारतांत 1.44 अब्ज लोक आसात. संयुक्त राश्ट्रांच्या लोकसंख्या निधीच्या (UNFPA) अहवाला प्रमाण चीन दुसरे सुवातेर आसा आनी तातूंत 1.425 अब्ज लोक रावतात. भारताचे लोकसंख्येचे वाडीचो संबंद समाजीक अर्थीक परिस्थितीत सुदारणा आनी देशांतल्या आवयच्या मरणाचें प्रमाण उणें जावपाकडेन जोडला. 2011 वर्सा केल्ले निमाणे जनगणने प्रमाण भारताची लोकसंख्या 1.21 अब्ज आशिल्ली. चीनाची लोकसंख्या 2022 वर्सा 1.426 अब्ज आशिल्ली पूण ती उणी जावपाक लागल्या असो संयुक्त राष्ट्र संघटनेचो अदमास आसा. ह्या शेंकड्याच्या शेवटाक चीनाची लोकसंख्या एक अब्ज सकयल देंवू येता असो अदमास तज्ञांनी उक्तायला. भारताची लोकसंख्या मात फुडल्या कांय दशकांत वाडत रावपाची आस्त आसा.**

**दिव्यांग परीशद**

**मडगांवच्या गोविंद रामनाथ कारे कायदो महाविद्यालयान गोंय दिव्यांग व्यक्ती आयोगाच्या सहकार्यान दोन दिसांची राष्ट्रीय परिशद घडीवन हाडल्या /२६ आनी २७ एप्रिल २०२४ अशी दोन दिसांची ही राष्ट्रीय परीशद कारे कायदो महाविद्यालयाच्या सभाघरात जातली जीपार्ड आनी वास्को जेसी क्लबाच्या पालवान जावपी ह्या परीषदेत राज्यातल्या म्हाविद्यालयातले आनी उच्च माध्यमिक विद्यालयातले शिक्षक वांटेकार जातले, "अपंगत्व आशिल्ल्या व्यक्तींक सशक्त करप आनी समावेश आनी समता निश्चीत करप' ह्या विशयाचेर ही परीशद आयोजित केल्या परिशदेत वांटेकार जावेक सोदपी शिक्षकांनी २१ एप्रिल मेरेन ऑनलाइन नाव नोंदणी करची अशे आयोजकांनी कळीत केला.**

**ELECTION 100**

**लोकसभा वैचणुकेच्या पयल्या पांवड्याखातीर काल सांजे प्रचार सॉपलो. ह्या पांवड्या मतदान फाल्यां 17 राज्यांनी आनी चार केंद्र शासित प्रदेशांनी पातळिल्ल्या 102 मतदारसंघांनी जातलें.**

**हातुंत अरुणाचल प्रदेश, मेघालय, मिझोराम, नागालँड, सिक्किम, अंदमान आनी निकोबार जुवे, लक्षद्वीप, पुडुचेरी, उत्तराखंड आनी तमिळनाडूचो आसपाव आसा.**

**तशेंच राजस्थानांतल्या 12 जाग्यांचेर, उत्तर प्रदेशांतल्या आठ जाग्यांचेर, मध्य प्रदेशांतल्या स सुवातांचेर, आसाम आनी महाराष्ट्रांतल्या दरेकी पांच सुवातांचेर, बिहाराच्या चार सुवातांचेर, अस्तंत बंगालांतल्या तीन जाग्यांचेर, मणिपूरांतल्या दोन जाग्यांचेर आनी छत्तीसगड, त्रिपुरा आनी जम्मू-काश्मीरांत दरेकी एका सुवाते खातीर मतदान जातलें**

**लोकसभा वेंचणुकेच्या पयल्या पांवड्यार एक हजार 625 उमेदवार वेचणूक रिंगनांत आसात. लोकसभा वेंचणुकेच्या पयल्या पांवड्या खातीर मतदान करपा वांगडाच फाल्यां अरुणाचल प्रदेश आनी सिक्किमांत विधानसभेखातीर मतदान जातलें.**